# म्हातारपण पिरायेची जीण उमेदीची करपाक आयुर्वेद उपचार सोदपाची गरज-राज्यपाल

ता. 29 ऑगस्ट 2018
7 श्रावण 1940

राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी आयज पणजे कला अकादमीत भारतीय संस्कृती प्रबोधिनीच्या शिरोडेच्या गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालयान जेरा-जेरियाट्रीक डिसऑर्डर हया विशयाचेर आयोजित केल्ल्या दोन दिसाच्या आंतरराष्ट्रीय परिशदेचे केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नायक, गोंय विधानसभेचे सभापती डॉ. प्रमोद सावंत, आयुष मंत्रालयाचे सचिव श्री. राजेश काटेजा, गोंय विद्यापीठाचे उपकुलगुरू प्रो. वरूण साहनी आनी हेर मानेस्तांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले.

हया वेळार उलयताना राज्यपालान म्हणले, मनशाक म्हातारपणापासून सुटका ना, पूण म्हातारपणातल्या दुयेंसांचेर योग्य उपाय करून म्हातारपणाची जीण उमेदीची आनी समाधानी करप शक्य आसा. आमच्या भारत देशाक आयुर्वेदाची समृध्द परंपरा आसा आनी आयच्या आधुनिक युगातय ग्रामीण वाठारातले जाण्टे लोक आयुर्वेद वखदांचो उपेग करतात. आयज भारतासयत जगाच्या हेर वाठारात आयुर्वेदाचेर मोठया प्रमाणात संशोधनाचे काम चलता आनी हाचो फायदो लोकांक भविश्यात नक्कीच जातलो, अशेंय राज्यपालान म्हणले.

केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नायक हांणी परिशदेच्या आयोजकांचे अभिनंदन करून फुडें म्हणले, की सध्या आयुर्वेदाक पर्यायी उपचार पदद्त समजतात. पूण आयुर्वेदाच्या मळार संशोधनाचो वावर करप्यांनी आयुर्वेदाक वैजकीय उपचारांच्या मुख्य प्रवाहात हाडपाखातीर प्रयत्न करपाक जाय. आयुर्वेद उपचार पद्दतीपासून मनशाच्या कुडीक कसलीच हानी जायना, अशेंय तांणी म्हणले.

सभापती डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हया वेळार उलयताना म्हातारपणाची पिराय दुखदिणी आसता, पूण आयुर्वेद संशोधकांनी म्हातारपणातल्या दुयेंसाचेर योग्य उपाय काडले जाल्यार जाण्टया लोकांची जीण उमेदीची जावप शक्य आसा, अशें सांगले.

गोंय विद्यापीठाचे उपकुलगुरू प्रो. वरूण साहनी हांणी हया वेळार आपले विचार व्यक्त केले.

हया वेळार मानेस्तांच्या हस्तूकीं आयुर्वेद महाविद्यालयाचे शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांचो भोवमान केलो.

संस्थेचे अध्यक्ष श्री.पी.के.घाटे हांणी महाविद्यालयाच्या कार्याचो नियाळ वाचलो.

आयुष मंत्रालयाचे सचिव श्री. राजेश काटेजा, महाविद्यालयाचे प्रो. निलेश कोरडे, हेर शिक्षक आनी विद्यार्थी हयावेळार हजर आशिल्ले.

सुरवेक गोमंतक आयुर्वेद महाविद्यालयाच्यो प्राचार्य श्रीमती अनुरा बाळे हांणी मानेस्ताक येवकार दिलो. श्री. अनिल पानसे हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/सप/टीएसएस/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1479